गोंय सरकार
म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी गोंय
सरकारी पत्रक

नाविकांक कळोवणी

ता. 20 सप्टेंबर 2019

कॅप्टन ऑफ पोर्टस खात्यान आग्वाद उदका येरादारी मार्ग सगळ्यां तरेच्या तारवांखातीर उकतो केल्ल्याचे जाहीर केला. तशेंच कांपाल, तेजो फ्रंट, तेजो रिअर, रेईश मांगूश, पेन्ह-द-फ्रांस आनी आग्वादचे दीपगृह चालू केला. दर्या वटेन वचपी आनी पणजी बंदरा वटेन येवपी तारवांनी खंयच्या बाजून येरादारी करप हे दाखोवपा खातीर उफेवपी खुणो (Buoy) दवरल्यात. बाणस्तारी पुलापोंदच्या कुंभारजुवा कॅनलातल्यान येरादारी करपाक पुराय बंदी घातल्या. तशेंच तारवांनी नव्या आनी पोरण्या मांडवी पुला पोंदच्यान येरादारी करतना आपल्या मार्गान कमीत कमी गतीन सांबाळून येरादारी करची आनी हेर सुचोवण्यांक पाळो दिवचो. तशेंच धावजी हांगा नव्या कोंकण रेल्वे पुला पोंदच्यान येरादारी करतना तारवांनी खबरदारी घेवपाची गरज आसा, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/604

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA